Panaji Regional $11^{th}$ March 2025 7.25am

Cm रश्मि 80

मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी काल मंत्रालयात मुख्य सचीव, सचीव, तर आनी दक्षिण गोंय जिल्होअधीकारी तशेंच वेगवगळ्या खात्याच्या मुखेलीवांगडा कामकाजाचो नियाळ घेवपी बसका घेतली .

वित्तीय वर्स 24-25 च्या अर्थसंकल्पीय निधीच्या उपयोगाचो नियाळ आनी अर्थीक वर्साच्या निमाण्या म्हयन्यांत प्रलंबीत कामा बेगोबग निकालात काडपाचो आदेश ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान दीला.

तशेंच केंद्र सरकाराच्या येवजण्यांचो लाव आनी राज्यांत चालीक लावप, नव्या केंद्रीय येवजण्यांची अंमलबजावणी करपाचो आदेश ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान अधिकाऱ्यांक दीला.

हे शीवाय प्रशासकीय आॅनलायन सेवा,दयानंद सामिजीक सुरक्षा येवजण,लाडली लक्ष्मी, ग्रुह आधार, समाज कल्याण येवजण्यां विशीचो नियाळ मुखेलमंत्र्यान घेतलो. ग्रीन बजट,कोयर वेवस्थापन,

पर्यटन ,तशेंच सरकारान अर्थसंकल्प तयार करताना लोकांकडल्यान मागीयल्ल्या सुचवणेंचेर ह्यावेळार चर्चा जाली.

Ganesh 130

म्हादयंतल्यान 3.9 टीएमसी उदक वळोवपा खातीर प्रस्तावीत कळसा-भांडुरा प्रकल्प चालीक लावपाक कंत्राटदाराची नेमणूक केल्या अशें कर्नाटकाचे मुखेलमंत्री सिद्धरामय्या हांणी अर्थसंकल्पांत जाहीर केलां. कर्नाटकाच्या अर्थसंकल्पा विशीं हांव कित्याक उलोवं? अशी प्रतिक्रिया मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी दिली.

म्हादयच्या प्रस्ना विशीं गोंय सरकार गंभीर आसा. सध्या हो विशय सर्वोच्च न्यायालयांत प्रलंबीत आसा अशें डॉ. सावंत हांणी सांगलें. मंत्रालयांतल्यान भायर सरतना तांणी ही प्रतिक्रिया दिली.

म्हादय लवादान कर्नाटकाक 3.9 टीएमसी उदक दिलां. लवादाच्या निवाड्याक गोंय, कर्नाटक आनी महाराष्ट्रान आव्हान दिलां. लवादाचो निवाडो अधिसुचीत जाल्ल्यान कर्नाटकान कळसा - भांडुरा प्रकल्पाची येवजण तयार केल्या. केंद्रीय रान आनी पर्यावरण मंत्रालयांतल्यान पर्यावरण दाखलो मेळ्ळया उपरांत काम सुरू करतले अशें कर्नाटकान जाहीर केलां. कर्नाटक परवानो मेळोवपाचो यत्न करता तरी ताका आजून परवानो मेळूंक ना. पर्यावरण दाखलो मेळामेरेन कळसा - भांडुरा प्रकल्पाचेर काम सुरू करचे नात अशें कर्नाटकान सर्वोच्च न्यायालयाक आश्वासन दिलां.

Prasad - 145

मडकई उद्देगीक इस्टेट इंडस्ट्रीज असोसिएशनान काल राष्ट्रीय सुरक्षीतताय सप्तक २०२५ चें निमतान कार्यावळ घडोवन हाडली. ह्या वेळार फॅक्टरी आनी बॉयलरांचे मुखेल निरिक्षक श्री अनंत पंगम मुखेल सोयरे म्हूण हाजिर आशिल्ले. मडकई इंडस्ट्रियल इस्टेट इंडस्ट्रीज असोसिएशनचे सोहन केळेकार हांच्या फुडारपणाखाल राष्ट्रीय सुरक्षेचो सप्तक घडोवन हाडला, जो चड करून उद्देगीक पांवड्यार आयोजीत करतात. पयलेच खेपे संघटणेन ही कार्यावळ घडोवन हाडली जंय सगळे उद्देगानी एकाच छप्परा खाला वांटो घेताले.

सोहन केळेकारान ह्या मेळाव्याक येवकार दिलो आनी मडकयतल्या सगळ्या उद्देगांक एकठाय करून ही कार्यावळ घडोवन हाडपा फाटलें कारण सांगलें, ह्या कर्यावलिक लागून ल्हान उद्देगांक व्हड उद्देगां वांगडा एकठांय येवन आपल्या कामगारांत सुरक्षेची जागृताय करपाक मेळ्ळी.

अनंत पंगम हांणी आपल्या उलोवपांत फकत सुरक्षेच्या सप्तकांत न्हय तर सगळ्या 365 दिसांनी कामगारांच्या सुरक्षेचो पाळो दिवपाची गरज आसा अशें सांगले. सुरक्षेचो सप्तक मनवपा खातीर मडकैतल्या सगळ्या उद्देगांक एकाच छप्परा खाला हाडपा

खातीर मडकय उद्‌देगीक इस्टेट इंडस्ट्रीज असोसिएशनान केल्ल्या यत्नांची तांणी तोखणाय केली.

Ganesh – 110

अर्थसंकल्पी अधिवेशनाचे कामकाज थारावपा खातीर कामकाज सल्लागार समितीची बसका सभापती रमेश तवडकार हांच्या फुडारपणा खाला फाल्यां 12 मार्चाक विधानसभा संकुलांत जातली. अधिवेशनांत येवपी प्रस्न, सरकारी विधेयकां आनी हेर कामाकाजाचेर बसकेंत चर्चा जातली, अशी म्हायती गोपां कडल्यान मेळ्ळी. गोंय विधानसभेचें अर्थसंकल्पी अधिवेशन 24 मार्च ते 26 मार्च मेरेन जातलें. मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हे 26 मार्चाक 2025 - 2026 वर्साचो अर्थसंकल्प सादर करपाची शक्यताय आसा. हे विशींचो निर्णय मात कामकाज सल्लागार समितीचे बसकेंत जातलो. मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, विधीमंडळ कामकाज मंत्री अालेक्स सिक्वेरा, उपसभापती ज्योशुआ डिसोझा, विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमांव, वीज मंत्री सुदीन ढवळीकार, आमदार विजय सरदेसाय, वेंझी व्हिएगश, विरेश बोरकार हे कामकाज सल्लागार समितीचे हेर वांगडी आसात.

गणेश स्मार्ट city

स्मार्ट सिटी खाला पणजी स्मार्ट सिटी लिमिटेड कंपनीक आतां मेरेन केंद्र सरकारा कडल्यान 441 कोटी रुपया मेळ्ळयांत. हातूंतले 411 कोटी रुपया खर्च जाल्यात. ही आंकडेवारी 4 मार्च 2025 मेरेनची आसा. केंद्रीय नगर विकास राज्यमंत्री तोखान साहू हांणी राज्यसभेंत दिल्ल्या लेखी जापांतल्यान ही म्हायती मेळ्ळया. खासदार सदानंद शेट तानावडे हांणी हे संबंदी अतारांकित प्रस्न उबो केल्लो.